## राज्यपालाकडल्यान विशू आनी बैसाखी सणाची परबीं

ता.13 एप्रिल 2018
23 चैत्र 1940

गोंयची राज्यपाल डॉ.(श्रीमती) मृदुला सिन्हा हांणी गोंयच्या लोकांक विशू आनी बैसाखी सणाच्या शुभप्रसंगार हुनहुनीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, ''सांस्कृतिक आनी पारंपारिक विविधतायेखातीर भारत देशाची संवसारभर वळख आसा.  नवें वर्व मनोवप हे भारताच्या वेगवेगळया वाठारातल्या सांस्कृतिक रंगारंगाचो म्हत्वाचो भाग आसा.  हरयाणा आनी पंजाब सारखी राज्या शेती वेवसायान समृध्द आसात आनी बैसाखी सण म्हळयार हिवाळी वा रब्बी पिकांच्या लुवणीचो वेळ आनी नव्या वर्साची सुरवात आसा.  ते खातीर हो सण शेतकारांखातीर अत्यंत म्हत्वाचो आसा आनी हो सण उपकार मानपाचो सण म्हुण वळखतात.  त्याचप्रमाण केरळात हया सणाक विशू म्हणटात आनी केरळातले लोक हो सण नव्या वर्साचो शुभदिस म्हुण मनयतात.  केरळात सगळेकडेन धार्मिक विधी आनी परंपरासयत मोठया  उमेदीन हो सण मनयतात.  पारंपारिक विधी करून भरभराटीच्या वर्साचो मानस करतात. वसंतऋतुतल्या सगळया सणाप्रमाण हया दोनीय सणाकडेन आस आनी अपेक्षा फळादीक जावपाक नवी फांतोड घेवन येवपी सण म्हुण पळयतात.

हया वर्साचो विशू आनी बैसाखी सण प्रत्येकाखातीर चड खुशालकाय आनी भरभराट घेवन येव, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात फुडें म्हणटा.